**कृष्णदासा शामा मध्यवर्ती वाचनालयान ग्रंथपाल दीस मनयलो**

ता. 30 ऑगस्ट 2021

ग्रंथालय शास्त्र आनी चळवळीचे जनक डॉ. एस. आर. रंगनाथन हांच्या जयंती दिसा कला आनी संस्कृती संचालनालय आनी कृष्णदासा शामा गोंय राज्य मध्यवर्ती वाचनालयान ग्रंथपाल दीस मनयलो. गोंय सरकाराचे आदले वित्त सचीव श्री दौलत हवालदार कार्यक्रमाचे मुखेल सोयरे आशिल्लें.

कला आनी संस्कृती संचालनालयाचे संचालक श्री सगुण वेळीप, उपसंचालक आनी प्रभारी क्युरेटर श्री अशोक परब, पालवी राज्य ग्रंथपाल श्रीमती सुलक्षा एस. कोळमुळे आनी हेर अधिकारी कार्यक्रमाक उपस्थित आशिल्ले.

कार्यक्रमाचे मुखेल सोयरे म्हुण उलयताना श्री हवालदार हांणी आयच्या युगात नवीन माध्यमांतल्यान ज्ञानाचो प्रसार करपा खातीर ग्रंथपाल खुप म्हत्वाची भुमिका बजावतात, अशें सांगून ग्रंथपालांनी डिजिटल तंत्रज्ञानासयत अपडेट रावपाची गरज उक्तायली.

ह्या वेळार श्री दौलत हवालदार हांचे हस्तुकीं मध्यवर्ती वाचनालयाच्या वर्सुकीं अहवालाचे विमोचन जाले.

ग्रंथपाल दिसानिमतान मध्यवर्ती वाचनालयान पुस्तक प्रदर्शनाचे आयोजन केल्ले.

श्री प्रदीप नाईक हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले.

श्रीमती सुलक्षा कोळमुळे हांणी निमाणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ ऑप / विगां/ 2021/736

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji